Akashvani Panaji National news 8.40am 10th September 2025

Isro 50

इस्रोचे अध्यक्ष व्ही. नारायणन हाणी सांगले की, ऑपरेशन सिंदूर वेळार, सगळ्या भारतीय उपग्रहांनी चोवीस तास काम केले आणि आवश्यकता पूराय केल्या. नवी दिल्लीत एका कार्यक्रमात उलयताना, नारायणन हाणी अधोरेखित केले की इस्रो भारताची तांत्रिक धार कशी घटमुट करता, स्थानिकीकरण आणि तंत्रज्ञान हस्तांतरणाक चालना दिता आणि देशाक जागतिक अंतराळ फुडारी म्हणून स्थान दिवपाक अंतराळ उद्योजकता कशी चलयता byte

जयशंकर 30

परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस जयशंकर हाणी आज तिसऱ्या ग्लोबल साउथ यंग डिप्लोमट्स फोरमच्या सहभागीं वांगडा संवाद साधलो. सोशल मीडिया पोस्टत, डॉ. जयशंकर हाणी ग्लोबल साउथ अजेंडा मुखार व्हरपी भावना आणि एकतेचेर उजवाड घालो.. Byte

VP-151

उपराष्ट्रपती म्हुणुन वेंचून आयिल्ले सी पी राधाकृष्णन हांणी दुसर्या सगळ्यांत उंचेल्या घटनात्मक पदाच्या वेंचणूकेक राश्ट्रवादी विचारसरणेचें जैत अशें म्हणलां आनी 2047 मेरेन भारताक विकसीत राष्ट्र करपा खातीर वावुरपाची प्रतिज्ञा घेतल्या .काल तांणी उपराष्ट्रपती पदाची वेंचणुक 152 मतांच्या अंतरान जिखली.तांका 452 मतां मेळ्ळीं जाल्यार ताच्या विरोधक बी सुदर्शन रेड्डीक हांका 300 मतां मेळ्ळीं. जैता उपरांत तांच्या पयल्या भौशीक उलोवपांत तांणी सांगलें कि , विरोधी युतीन ही वेंचणूक वैचारीक झूज आसून , मतदान पद्दतींतल्यान राष्ट्रवादी विचारसरणी जैतिवंत जाल्या अशे तांणी सांगला . हें दरेका भारतीयाचें जैत आनी 2047 मेरेन भारताक विकसीत राष्ट्र करपाखातीर सगळ्यांनी एकठांय काम करचें पडटलेंअशे तांणी म्हणला.राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नवे वेचून आयिल्ले उपराष्ट्रपती c p

राधाकृष्णनन हांका परबी भेटयली. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी सांगलें कि, भौशीक जिणेंत ताच्या दशकां सावन मेळिल्ल्या गिरेस्त अणभवाक लागून राष्ट्राचे प्रगतींत म्हत्वाचें योगदान जातलें आनी घटनात्मक मुल्यां सशक्त जातली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणीय सीपी राधाकृष्णन हांकां मेळून काल परबी भेटयली

Pm Himachal 172

काल प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी हिमाचल प्रदेशांतल्या हुंवार, भूंयकांप, आनी व्हड पावसाचो परिणाम जाल्ल्या वाठारांचे हवाई सर्वेक्षण केले . सैमीक संकश्टाक लागून जाल्ल्या लुकसाणाचो नियाळ घेवपा खातीर आनी लुकसाणाचें मुल्यांकन करपा खातीर प्रधानमंत्र्यानी राज्य सरकारा कडेन बसका घेतली. ह्या प्रसंगाचेर तांणी हिमाचल प्रदेशांतल्या हुंवार आनी पावसाच्या त्रासांत पीडित जाल्ल्या वाठारां खातीर पंदराशें कोटी रुपयांची अर्थीक मजत दिवपाची घोशणा केली. बाधित कुटुंबां कडेन संवाद सादून, आदार कामगारांक प्रेरीत करून प्रधानमंत्र्यान आदर दिलो. बाधित कुटुंबां कडेन बसका घेतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी दुख्ख उक्तायलें. तशेंच मेल्ल्या मनशाच्या लागींच्या नात्यांतल्या लोकांक दोन लाख रुपया आनी जखमीं खातीर पन्नास हजार रुपया एक्स ग्रेटिया दिवपाची घोशणा केली. एनडीआरएफ, एसडीआरएफ, लश्कर, आनी आपदा मित्रा स्वयंसेवकांच्या बचाव आनी मदत कार्यावळींतल्या यत्नांची प्रधानमंत्रीन तोखणाय केली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या हाजिरेक लागून प्रशासन आनी बचाव पंगड ह्या दोगांयचें मनोबल वाडलां,

Pm Punjab 83

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी हुंवाराक लागून जाल्ल्या पंजाबा खातीर 1600 कोटी रुपयांची अर्थीक मजत दिवपाची घोशणा केल्या. तशेंच मेल्ल्या मनशाच्या लागींच्या नात्यांतल्यांक 2 लाख रुपया आनी हुंवारांत गंभीर जखमी जाल्ल्यांक 50 हजार रुपया एक्स ग्रेटिया जाहीर केल्यात. हुंवाराची परिस्थिती पळोवपा खातीर पंजाबांतल्या गुरदासपूरांत पावले उपरांत काल सांजवेळा प्रधानमंत्रीन वरिश्ठ अधिकाऱ्यां कडेन लुकसाणाच्या प्रमाणा विशीं नियाळ बसका घेतली. पुनर्विलोकन बसके आदीं प्रधानमंत्र्यान कांय हुंवार बळी आनी शेतकारां कडेन संवाद सादलो .कांय शेतकारांनी प्रत्यक्ष हस्तांतरण येवजण (डीबीटी) वरवीं बँक खात्यांत लुकसाण भरपाय घालपाची मागणी केल्ल्या

Nepal 57

नेपाळांतल्या घडामोडीं विशीं चर्चा करपा खातीर सुरक्षा मंत्रीमंडळ समितीचे बसकेचे अध्यक्षपद प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांबाळ्ळे . सोशल मिडिया पोस्टांत प्रधानमंत्र्यानी  सांगलेंकि , नेपाळांतली हिंसा खूब कष्टदायी आसा . नेपाळांतल्या तरणाट्यांच्या जिवाक लागून आपली वेदना उक्तायतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी नेपाळाची स्थिरताय, शांतताय आनी समृध्दी सगळ्यांत चड म्हत्वाचीआसा अशे सांगलें. तशेंच प्रधानमंत्र्यांनी  नेपाळांतल्या नागरिकांक शांततायेचे  डिकेन चलपाचे आवाहन केलां.

Doa india 51

दोहा हांगा इझ्राएलाच्या हल्ल्या उपरांत भारतान हुस्को उक्तायला आनी मुत्सद्देगिरी करपाचो उलो मारला.विदेश वेव्हार मंत्रालयान एका निवेदनांत म्हणलां, नवी दिल्लीक ह्या वाठारांतल्या सुरक्षा परिस्थितीचेर जावपी घडणुको आनी ताचो परिणाम हांचो खोलायेन हुस्को आसा. ह्या वाठारांतली शांतताय आनी सुरक्षेचो धोको निर्माण जावचो न्हय हे खातीर भारत संयम आनी मुत्सद्देगिरीचो खर आवाहन करता

Gst handcraft

सरकारान हस्तशिल्पाच्या विस्तृत वस्तूंचेर जीएसटी 12 टक्क्यां वयल्यान 5 टक्क्यां मेरेन उणी केल्या, जाका लागून हस्तवेवसाय करप्यांक आनी पारंपारीक हस्तकला क्षेत्राक व्हड उर्बा मेळ्ळ्या. ही उणीव लांकडी, फातर, आनी धातूच्यो मूर्ती, मूळ चित्रां आनी कोरीव कामां, हातांत तयार केल्लीं मेणवाती, कोरांतिल्लीं लांकडी उत्पादनां, हॅंडबॅग, पावटी, फातर जडयल्लें काम, टेराकोटा रांदचे कुडीचीं आयदनां, आनी पितळे, तांबें, लोखण, अॅल्युमिनियम, कंवचेपसून तयार केल्लीं सजावटीचीं कलाकृती अशा वस्तूंक लागू जाता. भारतीय हस्तकला गिरायकांक परवडपी आनी संवसारीक बाजारांत चड स्पर्धात्मक करपाचो हे कृतीचो हेतू आसा. कराचे भार कमी करून हे सुदारणेक लागून पारंपारीक उत्पादनांची मागणी वाडटली, आनी निर्यातीक प्रोत्साहन मेळटलें अशी अपेक्षा आसा. ह्या पावलान भारताची सांस्कृतीक अर्थवेवस्था घटमूट करपाची, गांवगिऱ्या उदरनिर्वाहाक आदार दिवपाची आनी शेंकड्यांनी वर्सां पोरणी हस्तकला परंपरा तिगोवन दवरपाची आस्त सरकाराक आसा. प्रसार माध्यमां कडेन उलयतना चेंबर ऑफ कॉमर्स, अर्थीक सल्लागार प्रवीण साहू हांणी ह्या जीएसटी सुदारणांची तोखणाय करून आमच्या राष्ट्रांतल्या वेपाऱ्यां खातीर आनी गिरायकां खातीर हो भांगराळ युग ठरल अशे म्हणलें.जीएसटी सुदारणा कारागिरांक सशक्त करप, सांस्कृतीक अर्थवेवस्थेक चालना दिवप, आनी हस्तकला सगळ्यां खातीर चड सुलभ करपाचे दिकेन एक परिवर्तनकारी पावल थारता.

Pension 62

कार्मिक, भौशीक कागाळी आनी पेन्शन राज्यमंत्री dr जितेंद्र सिंग आयज नवी दिल्लींत जावपी 14व्या निवृत्ती वेतन  अदालताचे अध्यक्षपद सांबाळटले. 21 खात्यां आनी मंत्रालयां संबंदीत कुटुंब निवृत्ती वेतन  प्रकरणां संबंदीत वट्ट 894 कागाळीं निवारणा खातीर अदालतांत घेवपाचो प्रस्ताव आसा अशें मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. कागाळी बेगीन सोडोवपाची खात्री करपाक आनी कुटुंब निवृत्तीवेतनधारकांचो स्वाभिमान आनी अर्थीक सुरक्षीतताय वाडोवपाक मंत्रालयान वचनबद्ध आसा अशें मंत्रालयान स्पश्ट केलां.

Imd 101

भारतीय  हवामान खात्यान फुडल्या 4 ते 5 दिसांनी  उदेंत  भारतात  उटानगराच्या  पावसाची परिस्थिती पातळटली असो अदमास उक्तायला . हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण आयज  अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमात  व्हड ते खूब व्हड पावस पडपाची शक्यताय आसा. फुडल्या 3 ते 4 दिसांत आयज उदेंत मध्य प्रदेशात  तशेंच छत्तीसगड, बिहार आनी ओडिशात घोग्यांनी  पावसाची परिस्थिती आसतली.

Cricket 34

आशिया करंड  क्रिकेट सर्तीच्या सुरवातीच्या मचींत काल रातीं अबू धाबींत अफगाणिस्तानान हांग्कांगाचेर 94 धांवड्यांनी  जैत मेळयलें. दुबय आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमात  आयज अ गटांतल्या सामन्यांत येजमान युएई आड  इंडियाची मोहीम सुरू जावपाची आसा.